आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागा

**10.04.2025 @ 6.30 pm**

Meal

केंद्र सरकारान प्रधानमंत्री पोषण शक्ती निर्माण योजनेअंतर्गत साहित्याच्या किमतीत ९.५० टक्के वाढ केल्या. ही योजना केंद्र पुरस्कृत योजना आसा ज्याअंतर्गत बालवाटिकेत शिकपी अकरा कोटींहून चड विद्यार्थ्यांक आणि सरकारी आणि सरकारी अनुदानित शाळांत पयली ते आठवीच्या वर्गात शिकपी विद्यार्थ्यांक गरम शिजीले जेवण दितात. केंद्रीय शिक्षण मंत्रालयान म्हणला की फुडल्या म्हयन्याच्या १ तारखेपासून सगळी राज्या आणि केंद्रशासित प्रदेशांत नवीन दर लागू जातले. या वाढीक लागुन २०२५-२६ त ९५४ कोटी रुपयांचो अतिरिक्त खर्च केंद्र सरकार उखलतलो

साहित्याच्या किमती व्यतिरिक्त, केंद्र सरकार भारतीय अन्न महामंडळा मार्फत सुमार २६ लाख मेट्रिक टन अन्नधान्याची पुरवण करता. अन्नधान्याचो १०० टक्के खर्च सरकार उखलता जातुन दरवरसा अंदाजे नऊ हजार कोटी रुपयांचे अनुदान आणि एफसीआय डेपोतल्यान शाळां मेरेन अन्नधान्याच्या येरादारी खर्चाचो १०० टक्के समावेश आसा.

Rana

२६/११ च्या मुंबय दहशतवादी हल्ल्यातलो आरोपी तहव्वुर राणा हाका आज भारतात हाडटले. केंद्रीय मंत्री पियुष गोयल हाणी सोशल मीडिया पोस्टात ही माहिती दिली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दृढनिश्चयान आज मुंबय हल्ल्यातल्या आरोपीक भारतात हाडटले आणि त्याका कडक ख्यास्त जातली, अशे त्यांनी म्हणला. मुंबईत

माध्यमांकडे उलयताना त्यांनी आरोप केलो की काँग्रेस सरकारान दहशतवाद्यांक शिक्षा करपाक कायच केले ना

अशी खबर आसा की त्याका अमेरिकेतल्यान खासा विमानान हाडटले. मजगती राष्ट्रीय तपास संस्थेचे मुख्यालय, पटियाला न्यायालय आणि राष्ट्रीय राजधानीतले काय हेर सुवातींची सुरक्षा वाढयल्या. अमेरिकेच्या सर्वोच्च न्यायालयान त्याचो अर्ज फेटाळल्यान प्रत्यार्पणापासून वाचपाचो ताचो निमणो प्रयत्न अयशस्वी झाल्या उपरांत राणाक भारतात हाडटात. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी म्हणले की तहव्वुर राणा हचे परत येवप हे मोदी सरकारच्या राजनैतिकतेचे वहड यश. त्यांनी सांगितले की, भारतातील लोकांशी गैरवर्तन करणाऱ्या सर्वांना परत आणणे ही भारत सरकारची जबाबदारी आहे. गृह राज्यमंत्री नित्यानंद राय हाणी म्हणले की, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनी पदभार स्वीकारल्यापासून देशातल्या देशविरोधी घटकांर कडक नजर दवरल्या. पत्रकारांकडे उलयताना राय हाणी म्हणले की, देशातल्यान दहशतवाद जवळजवळ पूरापपणान सोपला. गेल्या १४ वर्षांत भारतात अस्थिरता निर्माण करपाचो प्रयत्न करप्यांचेर कठोर कारवाई केल्या

Waqf

वक्फ (सुधारणा) कायदो, २०२५ च्या घटनात्मक वैधतेक आव्हान दिवपी याचिकांचेर सर्वोच्च न्यायालय या महिन्याच्या १६ तारखेक सुनावणी करतले. भारताचे सरन्यायाधीश संजीव खन्ना आणि न्यायमूर्ती संजय कुमार आणि के.व्ही. विश्वनाथन हांचो समावेश आशिल्ले खंडपीठ या प्रकरणाची सुनावणी करतले सुनावणी घेनासताना त्याच्या विरुद्ध कसलोय प्रतिकूल आदेश दिवचो न्हय हे खातीर एका याचिका कर्त्यान अर्ज दाखल केला. वक्फ (सुधारणा) कायदो, २०२५ मंगळवार पासून लागू झाला. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी या कायद्याक दिल्या संमती उपरांत सरकारान या संदर्भात अधिसूचना जारी केल्या

Hockey

हॉकींत भारतीय बायलांचो पंगड सव्वीस एप्रील ते चार मे मेरेन पांच सामन्यांच्या मालिके खातिर ऑस्ट्रेलियेची दौऱ्यार वतले .26 आनी 27 एप्रीलाक ऑस्ट्रेलिया ए पांगडाआड सलग दोन मॅचीं जातलयो , उपरांत 1, 3 आनी 4 मेक वरिश्ठ ऑस्ट्रेलियन पंगडा आड तीन मॅच जातलयो .सगळे खेळ पर्थ हॉकी स्टेडियमांचेर जातले .

सध्या fih संवसारीक क्रमवारींत भारत धावे सुवातेर आसा, जाल्यार ऑस्ट्रेलिया पांचवे सुवातेर आसा.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय आनी सिक्किम हांगा कांय सुवातींनी घोंगयानी पावस पडपाचो अदमास काडला. बिहार, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम, तमिळनाडू आनी केरळांतय अशीच परिस्थिती अपेक्षित आसा. भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण उत्तराखंड, झारखंड, हिमाचल प्रदेश आनी पंजाबांत विजांसयत वादळ येवपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, आयज रातच्या वेळार राजस्थान, मध्य प्रदेश आनी गुजरातांत उश्णतायेची ल्हार आनी उश्णताय राती बशेनऊच उरतली तशेच फुडल्या 3 दिसांत वायव्य भारतांत चडांत चड तापमान 2-4 अंश सेल्सियस ल्हव ल्हव वाडटलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

Gts

ग्लोबल टेक्नॉलॉजी समिट (GTS) २०२५ ची ९ वी आवृत्ती आजपासून नवी दिल्लीत आयोजित जाता. या वरसाच्या शिखर परिषदेची थीम संभावना म्हणजे शक्यता आसा - आणि उदेते तंत्रज्ञान सर्वसमावेशक वाढ कशी चलोवंक शकता, डिजिटल प्रशासन घटमुट करूक शकता आणि सीमापार भागीदारी कशी वाढवूक शकता हाचो सोध घेतले. तीन दिसांच्या या शिखर परिषदेत ४० परस चड भौशिक सत्रा आसतली,

ज्यात मुख्य भाषणा, मंत्रीस्तरीय संभाषणा, तज्ञांचे पॅनेल आणि धोरणात्मक संभाषणा हांचो समावेश आसतलो. आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो.

नमस्कार